**गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेन एसटी स्वातंत्र्य सैनिकांची नावां मागयल्यात**

ता. 5 सप्टेंबर 2025

गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेन गोंयच्या स्वातंत्र्य चळवळीत भाग घेतिल्ल्या आनी जांच्या नावाची आजून मेरेन वळख वा नोंद जावंक ना, अशा अनुसूचित जमातीच्या (एसटी) व्यक्तींची नावां मागयल्यात. फर्मागुडी फोंडे हांगा बांदपात येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिक वस्तुसंग्रहालयांत आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांची म्हायती प्रदर्शीत करपात येतली. संस्थेन 20 ऑक्टोबर 2025 मेरेन गोंय राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे कार्यालय, दुसरो माळो, दयानंद स्मृती इमारत, स्वामी विवेकानंद रोड, पणजी गोंय हांगा पडताळणी खातीर तपशील धाडपाचे आवाहन केला.

आदिवासी संशोधन संस्थेन आदिवासींचो वारसो सांबाळपा खातीर आनी फुडल्या पिळग्यांग आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या बलिदानाची म्हायती कळची म्हूण हो मोलादिक वावर हातांत घेतला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/728

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.